**16.02.2025 Morning 7.25 am**

**आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा**

**Sushant**

**ल्हान भुरग्या खातीर आशिल्या दुसऱ्या बुलबुल आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवाची सुरवात फाल्या सावन मडगाव हांगा जाता. ह्या चित्रपट महोत्सवाचे उदघाटन मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जातले.मुक्काम पोस्ट बोंबिलवाडी या मराठी चित्रपटान ह्या महोत्सवाची सुरवात जातली. ह्या वेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत आनी भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष तशेचा चित्रपट निर्माते दामोदर नाईक हे हाजिर आसतले. हो चित्रपट महोत्सव सोमवार 17 ते 21 फेब्रुवारी 2025 असे पाच दिवस मडगावच्या रवींद्र भवनात आयोजित केला. 21 फेब्रुवारी जावपी महोत्सवाच्या समारोप सुवाल्याक कला आनी संस्कृति मंत्री गोविंद गावडे उपस्थित रावतले. या कार्यक्रमात सर्वोत्कृष्ट चित्रपट, लघुपट आणि कलाकारांक इनामा दितले अशी माहिती पत्रकार परिषदेत दिल्या. हे वेळार आमदार दिगंबर कामत, माहिती व प्रसिद्धी खात्याचे संचालक दिपक बांदेकर, शिक्षण खात्याच्यो उपसंचालिका सिंधू प्रभूदेसाई तसेच महोत्सवाचे संचालक बिपिन खेडेकर आणि सिद्धेश नाईक उपस्थित आसले.**

**---------------------------------**

**Rashmi**

**भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी बांबोळे टर्शरी केन्सर सेंटराच्या बांधकामाची प्रत्यक्ष वचुन पळोवणी करुन नियाळ घेतलो मे .2026 मेरेन हे हॉस्पिटल सुरु जातले,प्रोटोन थेरपी लेगीत हांगा सुरु करपाची मोख भलायकी खात्यान दवरला अशी म्हायती तांणी पळोवणे उपरांत दिल्या.केन्स राचे पुर्व चांचणी, ताचेर उपचार, पॅलेटीव्ह कॅअर सेंटर, कॅन्सराच्या दुयेसाचेर संशधन, तशेंच कॅन्सराच्य दुयेतीची रेजिस्ट्री ह्या हॉस्पिटलात आसतली. हे हॉस्पिटल फकत गोंयांकुच न्ही जाल्यार कोंकणातल्या लोकांक लेगीत उपचार दिवपाक शकतलेसध्या गोंयांत . अशा पद्दतीचे हॉस्पिटल ना, ताका लागुन हे हॉस्पिटल गरजेचे आशिल्ले अशे मंत्री राणे हांणी म्हणला टाटा मेमोरियल हॉस्पिटलावांगडा कबलात करुन टर्शरी . केन्सर सेंटरा गोंय सरकारा चालीक लायतले अशी म्हायती तांणी ह्यावेळार दिल्या.**

**---------------------------------**

Rajashri

काय तांत्रिक कारणांक लागुन  जांची बांधकामां नियमित करपाक मेळुंक ना, ती करपाक शेनवार १ मार्च क  दक्षिण गोय जिल्हो प्रशासनान खास मोहीम राबयल्या . याबाबतची माहिती कायदो आनी पर्यावरण मंत्री आलेक्स सिक्वेरा हांणी दिली.जिल्हहधिकारी कचेरीत लोकांची गाऱ्हाणी आयकल्या उपरांत ते पत्रकारांकडे उलयताले.  त्या दिसा सकाळी १० ते ५ या वेळात दक्षिण गोयातल्या जिल्हहधिकारी कार्यालया उक्ती उरतली. फेब्रुवारी म्हयन्यात अशी मोहीम राबयल्ली. काय जणांची कागदपत्रा नाशिल्यान तांच्या खातीर संधी आसतली. कोलवा आनी लोटली शेतकाऱ्यांनी तांची भेट घेतली आनी नाले, बांध दुरुस्त करपाची विनवणी केली. ४ मार्चाक आयएसएल फुटबॉल आनी कार्निवल मिरवणूकय जातली. ते खातीर उपाय येवजल्यात, अशेय हांणी सांगले.

---------------------------------

NSD

भारतीय नौदलाची लेफ्टनंट कमांडर दिलना के आणि लेफ्टनंट कमांडर रूपा ए हांणी 'सागर परिक्रमा II' मोहिमेच्या तिसऱ्या टप्प्यात दक्षिण अमेरिकेच्या दक्षिण तोंकावयल्या केप हॉर्नांतल्यान INSV तारिणी पार करून एक इतिहासीक पावन्डो गाठला. ह्या वाठारांत नेव्हिगेशन करपा खातीर दक्षिण म्हासागराच्या खर परिस्थितीक तोंड दिवपाची लवचिकता आवश्यक आसता. ह्या उल्लेखनीय कामगिरीक लागून दोनूय अधिकाऱ्यांनी ‘केप हॉर्नर्स’ ही प्रतिश्ठीत पदवी मेळयल्या, जी केप हॉर्नाचेर येसस्वीपणान जिकपी कुशळ नाविकांक राखीव आसा.

---------------------------------

Rajashri

फोंडा पालीका वाठारांत खुपकडे इमारतीचे सांड उदक तशेच शौचालयाचे उदक रस्त्यावेल्यान व्हावता आनी  थळाव्यांक त्रासदायक थारता आसशिल्यान फोंडा पालिकेन यासंबंधी धडक कारवाय करपाचौ निर्णय घेतला. दाग - फोंडा हांगा एका इमारतीचे उदक सरळ रस्त्यावेल्यान व्हावता देखुन या इमारतीच्या सोसायटीन आठ दिसांत योग्य तो निर्णय घेवचो ना तर  वीज, आणि उदक जोडणी तोडतले, अशी शिटकावणी  फोंडा पालिकेने दिल्या. फोंडा पालिका क्षेत्रात

काय पोरण्या तशेच नव्या इमारतींचे सांड उदक थेट रस्त्यावेल्यान व्हावता. हे सांड उदक टाकी भरल्यान गटारात सोडतात, आणि थयच्यान ते सरळ रस्त्यावर येता. दुर्गंधीन लोकांक नाक मुठीत घेऊन वचचे पडटा, पुण कारवाय जायना असो दावो लौकांनी केला.मजगती, नगराध्यक्ष आनी मुख्याधिकाऱ्यांनी अशा प्रकारांचेर कारवाय करपाचे सत्र सुरू केला आनी दागांत इमारतीतल्यान सांड उदक सोडप्यांक नोटिसो धाडटले

---------------------------------

Rajashri

अयोध्येत श्री रामलल्लाचे दर्शन घेवपाक वचपी गोमंतकीयांची सोय जावची, हे खातीर अयोध्येत गोवा भवन उभारपाया हालचालींक सरकारान गती दिल्या . राज्य सरकारान थंय अधिकाऱ्यांचो एक पंगड धाडुन मंदिरापासून विमानतळाच्या दिशेन ५ किलोमीटर अंतरार ३ हजार चौखण मीटर आकाराचो भूखंड निश्चित केला. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी अयोध्या दौऱ्यावेळार भूखंड उपलब्ध जाल्यार गोवा भवन उभारपाची घोषणा केली. ते उपरांत उत्तर प्रदेश विकास निगमाच्या माध्यमातल्यान थयच्या सरकारान एक भूखंड गोवा सरकाराक दिवपाची तयारी दर्शयली. राज्य सरकारान स अधिकाऱ्यांचौ पंगड ह्याच सप्तकात अयोध्येक धाडील्लो. त्या पंगडात सर्वसाधारण तपासपाक धाडीले प्रमाण या भूखंडार गोवा भवन उभारपाक मेळटले, असो अभिप्राय सरकाराक दिला अशी माहिती मेळाल्या. या भूखंडात उंच सखलपणा नासून तो रस्त्यालागीच आशिल्यान थंय पावपुय सोपे जातले अशे यासंदर्भात अहवालात नमूद केला. थ्य तळमजल्यार ९० आणि पयल्या मजल्यार १०० कुडी बांधकाम शक्य आसा असो प्राथमिक अंदाज आसा. प्रशासनाचे अवर सचिव, सार्वजनिक बांधकाम खात्यातले वास्तुविशारद, भू नोंदणी अधिकारी, बांधकाम अभियंता आणि मुख्यमंत्री कार्यालयातल्या एका अधिकाऱ्याचो पंगडात आस्पाव आसा.

---------------------------------